# आयुर्वेद दीस मनयलो

ता. 13 नोव्हेंबर 2020

आयज राज्यांत 5वो आयुर्वेद दीस मनयलो. भलायकी सेवा संचालनालयाच्या आयुष विभागान सचिवालयातल्या सेमिनार हॉलांत आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे मुखेल सोयरे म्हुण हाजिर आशिल्ले. राज्यांत सगळ्यां 38 सय केंद्रांचेर आयुर्वेद दिसानिमतान 15 दीस कार्यक्रम जातले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान गोंय हे व्हेलनेस हब करपाची गरज उकतावन राज्यांत हेल्थ पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवपाचो सरकाराचो उद्देश आसा म्हणपाचे सांगले. आमच्या शेजारच्या केरळ राज्यांत व्हेलनेस पर्यटनात वाड जायत आसा आनी त्या खातीर आमीय व्हेलनेस सेंटरां उकती करून व्हेलनेस पर्यटनाक उर्बा दिवपाक जाय. गोंयांक सैमाचे वरदान लाभिल्ले आसून व्हेलनेस पर्यटनात ते योग्य आनी उपयुक्त आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

मुख्यमंत्र्यान आयुर्वेदाच्या मळार नवीन संशोधन आनी विकास जावपाचीय गरज उकतायली. भलायकी सेवा संचालनालयाच्या आयुष विभागाचे उपसंचालक डॉ. दत्ता भट हांणी येवकाराच्या भाशणात आयुष विभागान कोवीडाच्या काळात केल्ल्या सेवेची म्हायती दितना कोवीडातल्यान बरे जाल्ल्या दुयेंतीक आयुर्वेदीक वखदां दिली, जी तांका बऱ्याक पडली अशें तांणी सांगले.

डॉ. पुशपराज आमोणकर, डॉ. संतोष वेर्णेकर हांणी कोवीड सेंटरांनी केल्ल्या सेवेची म्हायती दितना आपले अणभव सांगले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/689

DI/NB/AP/JS/PN/2020/644
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA